# जिणेकौशल्य शिक्षणाचेर परिशदेचें आयोजन

ता. 13 फेब्रुवारी 2025

भारतीय जिणेकौशल्य शिक्षण संघटनेन पणजेच्या निर्मला शिक्षण संस्थेच्या जोड पालवान 27 फेब्रुवारी ते 1 मार्च 2025 मेरेन जिणेकौशल्य शिक्षणाचेर 10व्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें आयोजन केला.

“जिणेकौशल्य एकात्मिक शिकप आनी जीण- शाश्वत भविश्या खातीर मार्ग, शिक्षणात जिणेकौशल्याचो आसपाव करपा खातीर उपायांचेर भर आनी सर्वांगिण वैयक्तिक आनी सामाजीक विकासाक मजत करपा खातीर आधुनिक जिणेशैली“ असो परिशदेचो विशय आसा. ह्या परिशदेच्या माचयेर विचारवंत, शिक्षक, संशोधक आनी हेर तंज्ञ एकठाय येवन विशयाचेर चर्चा करतले आनी गिज्ञानाचें दिवप घेवप करतले. राज्यांतल्या युवकांमदी सर्वांगिण शिक्षण आनी कुशळटाय विकासाक प्रोत्साहन दिवपाक परिशदेचें योगदान मेळटलें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/140

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.